गोंय सरकार

म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें

पणजी गोंय

<u>सरकारी पत्रक</u>

**<u>उदका स्त्रोतांचो सांबाळ करपाची गरज- मुख्यमंत्री</u>**

ता. 25 सप्टेंबर 2019

गोंय राज्यातल्या उदका स्त्रोतांचे जतन करपाची गरज आसून गोंयचे सरकार म्हादय न्हंय प्रस्नाचेर कसलीच तडजोड करचे ना, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज परवरेंच्या संजय हायस्कुलांत कलाकृती आनी गोंय मनरिजवण संस्था हांच्या जोड पालवान आयोजीत सातव्या गोंय पर्यावरण महोत्सवाच्या उकतावण सुवाळ्यात उलयतना सांगलें.

गोंयच्या लोकांनी आमच्या पर्यावरणाचो सांबाळ करपाक जाय. आमच्यो न्हंयो, तळीं, व्हांळ आनी हेर उदका स्त्रोतांनी प्रदुशण जावचे न्हय म्हुण उपाय करपाची गरज आसा. गोंयांक सैमिक पर्यावरणाचो सोबीत वारसो लाभिल्लो आसून ताचे जतन करपा खातीर लोकांमदीं जागृताय करपाची गरज आसा, अशेंय मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

गोंय पर्यावरण महोत्सव आयोजकांचे अभिनंदन करून मुख्यमंत्र्यान समाजा खातीर बरे काम करपी लोकांक सरकार सदाच मदत आनी सहकार्य करपाक तयार आसता अशें सांगलें. तशेंच तांणी भुग्यांमदीं पर्यावरणाविशीं मोग निर्माण करपा खातीर शाळांनी अशा कार्यक्रमांचे आयोजन करपाचीय गरज उकतायली.

ह्या वेळार पर्यावरणाचेर आधारीत "आमोरी" ह्या राष्ट्रीय पुरस्कार जैतवंत फिल्माचे निर्माते आनी कलाकारांचो सत्कार केलो. पर्यावरण महोत्सवानिमतान तरेकवार सर्तीचें आयोजन केल्ले.

ह्या वेळार उपस्थीतांमदीं संजय शाळेच्यो वांगडी सचीव श्रीमती शेरू शिरोडकर, पर्यावरण मोगी श्री. राजेंद्र केरकार, आयोजन समितीचे वांगडी प्रेरणा पावसकार, रिता मोदी जोशी, फिल्म निर्माते धर्मानंद वेर्णेकर, ज्येश्ट पत्रकार श्री. प्रकाश कामत, श्री. प्रविण सबनिस आनी हेर मानेस्तांचो आसपाव आशिल्लो.

म्हा /सप/ एमएस/ जॉआ/ विगां/ 2019/621

-

-

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA